26th November 2026 8.40am

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी मनाली प्रभुगावकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

मुखेल खबरो

- आयज संविधान दिस मनयतात. संविधान दीसा निमतान संसदीय वेव्हार मंत्रालय mygov पोर्टला वरवीं संविधानाची प्रस्तावना, ऑनलायन वाचपाची दिता सुविधा.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल 'प्रगती'च्या ५५व्या बसकेत तरणाट्यांक प्रशिक्षण आनी रोजगार संदीं दिवपा खातीर राज्यां, आयटीआय आनी उद्देगां मदीं सहकार्याचो उलो मारलो.

- चीन, युरोपीय संघ, भारत ह्या सारक्या 14 अर्थवेवस्थेंतल्यान, आयात केल्ल्या वस्तूंचेर अमेरिकेन 15 ते 35 टक्क्यां मेरेन शुल्क लादपाचो, प्रस्ताव मांडला.

- गोंयच्या समृध्द सांस्कृतिक परंपरेचें दर्शन घडोवपी, IFFI 2026ची फ्लोट परेड काल सांजे पणजेत जाली.

- बुध्दिबळांत काल जिनीव्हांत जाल्ल्या संवसारीक चॅम्पियनशिपाच्या दुसऱ्या खेळांत, डी गुकेश हाणें, उझबेकिस्तानाचो जावो-खिर सिंडा-रोवा वांगडा 20 चालींनी बरोबरी.

आता पुराय खबरो

Constitution Day - 120

आयज संविधान दिस मनयतात. संविधान दीस, भारताच्या संविधानांत आस्पाव केल्ल्या तत्वां आनी मुल्यांचेर चिंतन करपाक आनी आदर्शांकडेन आशिल्ली सामुहीक वचनबद्धताय घटमुट करपाक एक संद दिता. घटनात्मक जागृताय, नागरीकत्व जबाबदार वाडोवप आनी राष्ट्राचीं लोकशाय मुल्यां सांबाळपाक सक्रीय वांटो घेवपाक प्रोत्साहन दिवपाचो, हो यत्न आसा. ह्या संदर्भात संसदीय वेव्हार मंत्रालय mygov पोर्टला वरवीं संविधानाची प्रस्तावना, ऑनलायन वाचपाची सुविधा दिता, तातूंत २३ भासो आनी इंग्लीश हांचो आस्पाव आसा. ह्या उपक्रमाक लागून देशभरांतल्या नागरिकांक प्रस्तावना वाचपाची संद मेळटा. सरकाराचे मंत्रालय आनी खातें, राज्य आनी केंद्रीय सरकार, स्वायत्त संस्था ह्या निमतान देशभरांत वेगवेगळे उपक्रम घडोवन हाडटात. ह्या कार्यावळींनी प्रस्तावनाचें सामुहीक वाचन, परिसंवाद, वेबिनार, प्रस्नमाची, निबंद आनी वादविवाद सर्त, पोस्टर तयार करप, सांस्कृतीक कार्यावळी, जागृताय मोहीम, आनी हेर कार्यावळीचो आस्पाव जाता.

PM PRAGATI - 120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल 'प्रगती'च्या ५५ व्या बसकेचे अध्यक्षपद भूषयले. 'प्रगती' हे एक भौ-आयामी व्यासपीठ असून, सक्रिय प्रशासन आनी वेळार अंमलबजावणेक प्रोत्साहन दिवप

हो, ह्या बसकेचो हेत आसा. हे बसकेंत प्रधानमंत्र्यानी रस्तो, वीज, कोळसो आनी रेल्वे क्षेत्रांतल्या पांच मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचो नियाळ घेतलो, जाचो वट्ट खर्च 78 हजार कोटी रुपयां परस चड आसा. प्रधानमंत्र्यांनी उद्देगीक प्रशिक्षण संस्था, पर्यावरण प्रणालीचो नियाळ घेतलो, तातूंत प्रधानमंत्री कुशळटाय आनी रोजगार क्षमता चालीक लावपाचो आस्पाव आसा. तरणाट्यांक बरे प्रशिक्षण आनी रोजगार संदीं दिवपा खातीर राज्यां, आयटीआय आनी उद्देगधंद्यां मदीं सहकार्याचो उलो तांणी मारला.

US Trade - 60

चीन, युरोपीय संघ, भारत ह्या सारक्या 14 अर्थवेवस्थेंतल्यान आयात केल्ल्या वस्तूंचेर अमेरिकेन 15 ते 35 टक्क्यां मेरेन शुल्क लादपाचो प्रस्ताव मांडला. हेर देशात तैवान, सिंगापूर, स्वित्झर्लंड, इंडोनेशिया, मलेशिया, कंबोडिया, थायलंड, दक्षिण कोरिया, बांगलादेश आनी जपान हांचो आस्पाव जाता. अमेरीकी वेपारी प्रतिनिधी जेमिसन Greer हांणी, अमेरिकन उत्पादना हाताळपाच्या प्रक्रियेक लागून नुकसान जाता. आनी देशाची उद्देगीक बुन्याद दुबळी जाता, अशे सांगले.

Netherlands India Port - 120

भारत आनी नेदर्लंड्स हांणी दर्यावेल्या सहकार्याक घटमूट करपा विशीं उलोवणी केल्या. तातूंत बंदर आधुनिकीकरण, दर्यावेली मुळावी बांदावळ, जहाज येरादारी मार्ग, शाश्वत इंधन, उदकामार्ग आनी जहाज बांदपाचेर भर दिला. केंद्रीय बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग राज्यमंत्री शांतनू ठाकुर हांणी काल हेगांत, डच मुळाव्या साधनसुविधा आनी उदका वेवस्थापन मंत्री Vincent केरेमन्स हांचे कडेन, भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करून द्विपक्षीय उलोवणी केली. सोशल मिडियाचेर केल्ले पोस्टांत भारतीय दूतावासान, दर्यावेल्या अमृत काल व्हिजन 2047 खाला भारताच्या बंदर फुडारपणा खाला येवजण्यांक, दर्यावेल्या अभियांत्रिकीच्या डच तज्ञते वांगडा जुळोवपाचो, हे चर्चेचो हेत, आसा अशे सांगलें. मंत्री शांतनू ठाकुर काल तीन दिसांचे अधिकृत भेटीचेर नेदर्लंड्सांत पावले. ह्या भेटी वेळार ते उंचेल्या पांवड्याच्यो मंत्रिमंडळ बसका घेतले आनी दर्यावेल्या क्षेत्रांत द्विपक्षीय सहकार्याक मुखार व्हरपा खातीर, उद्देग प्रतिनिधीं कडेन संवाद सादतले.

Jitendra CII - 120

2030 मेरेन भारताची जैव अर्थवेवस्था 300 अब्ज डॉलर मेरेन पावपाची आस्त आसा आनी जैवतंत्रज्ञान फुडली उद्देगीक क्रांती घडोवन हाडटली, अशें विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री dr जितेंद्र सिंग हाणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या सी.आय.आय ग्लोबल जीनोमिक्स समिट 2026सात मार्गदर्शन करतना, भारताची बायोटेक स्टार्टअप इकोसिस्टम 2014 वर्सा सुमार 50 ते 60 स्टार्टअप आशिल्ली, ती सध्या 11 हजार जाल्या, अशें तांणी सांगलें. उद्देगीक फुडाऱ्यांक, स्टार्टअपांक आनी गुंतवणूकदारांक जीनोमिक्स, मल्टी-ओमिक्स आनी प्रगत जैवतंत्रज्ञानांत गुंतवणूक आनी सहभाग वाडोवपाचो उलो तांणी मारला. भलायकी जतनाय, शेती आनी संवसारीक

अर्थीक स्पर्धेच्या फुडाराक आकार दिवपी रणनिती तंत्रज्ञान माची म्हणून, जैवतंत्रज्ञान उदयाक येता, अशें तांणी सांगलें. तशेंच भारताची जैवतंत्रज्ञान पर्यावरण प्रणाली घटमूट करपा खातीर उद्देग प्रतिनिधी, स्टार्टअप आनी हेर भागधारकांक एकठांय हाडपा खातीर, सी.आय.आयची तांणी तोखणाय केली.

IFFI –

गोंयच्या समृध्द सांस्कृतिक परंपरेचें दर्शन घडोवपी IFFI 2026ची फ्लोट परेड काल सांजे पणजेत जाली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी ह्या परेडीचे उक्तावण जाले. 'सेलिब्रेटिंग जॉय ऑफ सिनेमा' ह्या संकल्पनेखाला काडिल्ल्या ह्या परेडीन 57व्या भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या सांस्कृतिक सुवाळ्याक आकर्शक केले. परेडीची सुरवात पणजेच्या सांता मोनिका पर्यटन जेटिकडल्यान जाली आनी कला अकादमीकडेन ही परेड सोपली. गोंयच्या पारंपारीक कला, संस्कृती आनी चित्रपट कलेचो संगम घडोवन ह्या परेडीन उपस्थितांचें लक्ष वेधून घेतलें. कार्निव्हल आनी शिगमोत्सवाच्या परंपरेंतल्यान प्रेरणा घेवन, तयार केल्ल्या फ्लोट्सनी गोंयच्या सांस्कृतिक वैभवाचें दर्शन घडयलें. ह्या निमतान मनोरंजन संस्थेच्या परिसरांत फाल्या, रोमटामेळ सादरीकरण सर्तीचें आयोजन केलां. ह्या सर्तीत पारंपारीक कलाकारांक आपली कला राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय प्रतिनिधींसमोर, सादर करपाची संदी मेळटा. तशेंच आकाश कंदील आनी नखेत्र सर्तीचेंय आयोजन केलां.

57व्या इफिफच्या 'गाला प्रीमियर' विभागात मनीष सैनी दिग्दर्शित 'भाई बँड' हो गुजराती चित्रपट प्रदर्शित जालो. हो चित्रपट दोगां भावांची कथा सांगता. 'भाई बँड' हो एका वेगळ्याच शैलीचो, रंगीत आनी चैतन्यमय असो चित्रपट, अशें अभिनेतो प्रीत कमानी हांणी सांगलें. हो आपलो पयलो गुजराती चित्रपट अशें सांगतना तांणी दिग्दर्शक मनीष सैनी हांचे वांगडा काम करपाचो अणभव सांगलो.

मजगती, महोत्सवात काल भारतीय संगीतातल्या दिग्गज आवाजांच्या, दायजाचो उत्सव मनयलो. तेच बरोबर चित्रपट निर्मितीची कला आनी भाशेची मर्यादा हुंपपाची चित्रपट माध्यमाची शक्त, हेविषीय उजवाड घालो. लता मंगेशकर, आशा भोसले, एस.जानकी ह्या यांसारख्या दिग्गज गायिकांनी गायिल्लीं गितां, आजय खूपशा पीळग्यातल्या संगीतकारांक प्रेरणा दितात, अशें फामाद पार्श्वगायिका के. एस. चित्रा हाणी सांगले. महोत्सवांत 'लता मंगेशकर टॉक: द व्हॉयस दॅट इकोज फॉरएव्हर - इन द मेमोरी ऑफ आशा भोसले अँड एस. जानकी' या विशेष सत्रात ती उलयताली.

वेव्स फिल्म बाजाराच्या २०व्या आवृत्तींत ४७१ खरेदीदार सयत, ५४ देशांतले २ हजारा परस चड प्रतिनिधी एकठांय आयल्यात, सुमार २२० बिझनेस-टू-बिझनेस बसकांक जाल्यो आनी आंतरराष्ट्रीय

फिल्म सहकार्याक नवे मार्ग उक्ते जाल्यात. भारत-चिले सह-निर्माणा खातीर दोन पत्रांचेर सय जाल्या, जाल्यार पांच दिसांच्या फिल्म बाजारात, वेवसायीक संवाद सादल्या उपरांत 14 समाजिकयेच्यो कबलाती जावपाक लागल्यात, अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयान सांगलें.

Aviation MOU - 120

विमान देखरेख आनी दुरुस्ती क्षेत्रांत कुशळटाय आनी उद्देग उदरगतीच्या सहकार्या विशीं भारत आनी सिंगापूर हांचे मदीं समन्वय पत्राचेर, स्वाक्षरी करपाक केंद्रीय मंत्रीमंडळान मान्यताय दिल्या. प्रस्तावीत सहकार्या वरवीं भारतीय प्रशिक्षण संस्थांक गिन्यानाचे आदान-प्रदान आनी उद्देगीक सत्रातल्यान, तांचे अभ्यासक्रम आनी प्रशिक्षण क्षमता घटमूट करपाक मदत जातली. ह्या निर्णयाक येवकार दितना नागरी विमानन मंत्री राममोहन नायडू हांणी, हे कबलातीचो म्हत्वाचो परिणाम जातलो, अशे सांगले.

President Homeopathy - 100

राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू हांणी होमियोपॅथीची विस्वासपात्रताय वाडोवपा खातीर शास्त्रीय संशोधन, पुराव्याचेर आदारिल्लें मूल्यमापन आनी दुयेंतींची सुरक्षीतताय घटमूट करपाचो उलो मारला.

Chess - 40

बुध्दिबळांत काल जिनीव्हांत जाल्ल्या फिडे संवसारीक चॅम्पियनशिपाच्या दुसऱ्या खेळांत, सध्याचो संवसारीक जैतिवंत डी गुकेश हाणें, उझबेकिस्तानाचो जावो-खिर सिंडा-रोवा वांगडा 20 चालींनी बरोबरी केली. 14 खेळांच्या चॅम्पियनशीप मॅचीच्या दोन खेळांनी, आतां दोनूय खेळगडे समांतर आसात. तिसरो खेळ आयज जातलो.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- आयज संविधान दिस मनयतात. संविधान दीसा निमतान संसदीय वेव्हार मंत्रालय mygov पोर्टला वरवीं संविधानाची प्रस्तावना, ऑनलायन वाचपाची दिता सुविधा.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल 'प्रगती'च्या ५५व्या बसकेत तरणाट्यांक प्रशिक्षण आनी रोजगार संदीं दिवपा खातीर राज्यां, आयटीआय आनी उद्देगां मदीं सहकार्याचो उलो मारलो.

- चीन, युरोपीय संघ, भारत ह्या सारक्या 14 अर्थवेवस्थेंतल्यान, आयात केल्ल्या वस्तूंचेर अमेरिकेन 15 ते 35 टक्क्यां मेरेन शुल्क लादपाचो, प्रस्ताव मांडला.

- गोंयच्या समृध्द सांस्कृतिक परंपरेचें दर्शन घडोवपी, IFFI 2026ची फ्लोट परेड काल सांजे पणजेत जाली.

- बुध्दिबळांत काल जिनीव्हांत जाल्ल्या संवसारीक चॅम्पियनशिपाच्या दुसऱ्या खेळांत, डी गुकेश हाणें, उझबेकिस्तानाचो जावो-खिर सिंडा-रोवा वांगडा 20 चालींनी बरोबरी.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!